# जंगल मीटिंग



लेखन – डॉ. प्रमोद कुमार तिवारी

चित्रांकन – श्रेयस रजनीश व्यास

# आभार

## कार्यक्रम समन्वयक

प्रो. उषा शर्मा, *प्रोफ़ेसर एवं प्रभारी,*
राष्ट्रीय साक्षरता केंद्र प्रकोष्ठ, एन.सी.ई.आर.टी., दिल्ली

## लेखन

डॉ. प्रमोद कुमार तिवारी

## चित्रांकन

श्रेयस रजनीश व्यास

## मार्गदर्शन

प्रो. नीना सबनानी, *एनिमेटर एवं सहायक संकाय*,
डिज़ाइन विभाग, भारतीय प्रौद्योगिकी संस्थान, हैदराबाद

## आभार ज्ञापन

श्री श्याम सिंह सुशील, *लेखक*
श्री अक्षय कुमार दीक्षित, *मेंटर,* शिक्षा निदेशालय, दिल्ली प्रशासन, दिल्ली
डॉ. प्रसाद एस ओंकार, *प्रमुख (डिज़ाइन) एवं एसोसिएट प्रोफ़ेसर*, आई.आई.टी., हैदराबाद
प्रो. दीपक जॉन मैथ्यू , *प्रोफ़ेसर* , डिज़ाइन विभाग, आई.आई.टी., हैदराबाद
श्री डेल्विन जूड रेमेडियोज, *सहायक प्रोफ़ेसर*, डिज़ाइन विभाग, आई.आई.टी., हैदराबाद
श्रीमती अंकिता रॉय, *सहायक प्रोफ़ेसर*, डिज़ाइन विभाग, आई.आई.टी., हैदराबाद
डॉ. मोहम्मद शाहिद, *सहायक प्रोफ़ेसर*, डिज़ाइन विभाग, आई.आई.टी., हैदराबाद
डॉ. सौरव देवरी, *सहायक प्रोफ़ेसर*, डिज़ाइन विभाग, आई.आई.टी., हैदराबाद
डॉ. शुहिता भट्टाचार्जी, *सहायक प्रोफ़ेसर*, उदार कला विभाग, आई.आई.टी., हैदराबाद
श्री गौतम गोस्वामी, *सहायक प्रोफ़ेसर*, एनीमेशन एवं मल्टीमीडिया विभाग,
बिरला प्रौद्योगिकी संस्थान, जयपुर
श्री मोहम्मद शाह आलम, *वरिष्ठ परामर्शदाता (आई.सी. टी.)*,
राष्ट्रीय साक्षरता केंद्र प्रकोष्ठ , एन.सी.ई.आर.टी., दिल्ली
सुश्री भावना खेड़ा, *कनिष्ठ परियोजना अध्येता*,
राष्ट्रीय साक्षरता केंद्र प्रकोष्ठ, एन.सी.ई.आर.टी., दिल्ली

# रानांतली मिटिंग

**लेखन**

डॉ. प्रमोद कुमार तिवारी

**चित्रांकन**

श्रेयस रजनीश व्यास


विद्यया ऽमृतमश्नुते

एन सी ई आर टी
NCERT

राष्ट्रीय शैक्षिक अनुसंधान और प्रशिक्षण परिषद्
NATIONAL COUNCIL OF EDUCATIONAL RESEARCH AND TRAINING

सकाळच्यानूच चुळबुळ हुंदुरपेक आनी बिट्टू गिरबुजेक स्वास घेवंक लेगीत उसरपत नाशिल्ली. सगळयांच्या घरांत वचून आयज जावपी बसके विशीं सांगपाचें आनी तांकां आदरान आपोवपाचें काम तांकां दिल्लें.




त्या कोनशाची नितळसाण अजून उरल्या.
आपातकालीन बैठक
फाटल्या धा वर्सांत जीव-जंतूंचे जिणेचेर मनशाच्या वावराचे जायते प्रतिकूल परिणाम पळोवंक मेळ्ळयात. फुडारांत तांचे पासून कशे वांचचें, हे विशीं ही बसका आशिल्ली.


म्हजो उजवाड हांकां उणो पडटालो काय कितें..?
भावा, चल..!


सगले पशू-पक्षी आयले उपरांत मिटिंग सुरू जाली.
म्हाका सांग, नवी पिळगी तांचे संस्कार विसरत चल्ल्यात काय कितें..?
आमकां सगल्या जाणट्यांक आपोवणें कित्याक ना..?
पिंपळ बाब, तुमी रागार जावं नाकात.
आमी तुमकां विसरूंक नात. फुडल्या सप्तकांत झाडा-पेडांची वेगळी मिटिंग दवरल्या.


ही कसली गजाल? जेन्ना आमी एकठांय रावन आमचीं सुख-दुख्खां वांट्टात, जाल्यार मिटिंगो वेगवेगळ्यो कित्याक..?
मनशांचो हो अत्याचार आमचेरूय जाता.
आमी सगले एकठांय येवन येवजण घडयली जाल्यारूच ती येसस्वी जातली.
रस्त्या वटेनची म्हगेली खांदी सदांच बाविल्ली आसता. झाडां-पेडां आनी जिवांची समस्या एकूच आसा.







आतां हांव मोनू मोराक विनवणी करतां, ताणें आमकां सगल्या समस्यां विशीं सांगचें.




एक एक करून मोनून सगल्यो समस्या सगल्यां मुखार मांडल्यो.
उदकाचे सैमिक स्रोत ना जावप.
बांद बांदून उदकाचेर एकाधिकार स्थापप.
झाडां कापून व्हडले रस्ते करप.
रस्त्याचेर रातभर व्हड व्हडले दिवे पेटोवप.
रेडिएशनाक लागून जीव-जंतूंक मरण येवप.
धूळ आनी धुंवर वाडप.
वन वाठार सेगीत आंवळून वचप.
फुलां आनी रोंपे बावप.



तुमी म्हजें म्हणणें आयकात. रस्त्याचेर आनी काँक्रीटाचे जमनीर चलप म्हळ्यार लोखणाचे चणे चाबिल्ल्या सारकेंच.
हांवें आयकल्लें, जीव दोन तरांचे आसतात – जोतीं घालपी आनी ना घालपी.
आनी म्हाका दिसतालें, हांव दुसरे तरेच्या जिवांत येतां.
पूण पळयात! ह्या मनशांनी म्हाकाय जोतीं घालूंक लायलीं.


म्हजेंय बी आयकात... ह्या खावपाच्या जिनसांनी भरसण केन्ना सावन जावंक लागली?
म्हजो मिरसांगेचो सुवाद आतां पयलीं वरी मातूय उरूंक ना. अशें दिसता, कोणें तरी तातूंत रसायनां भरशिल्यांत.
हें कोणे म्हणलें..?
म्हाकाय कितें तरी सांगपाचें आसा.
हांव! मिनी मूय. आमी इतलीं त्राशीक जाल्यांत, हीं मनशांलीं भुरगीं आमी दिसतात थंय आमचो जीव घेवपाक तयार आसतात.
आमी तर हांकां केन्नाच दुखोवंक ना.


म्हाका येवपाक कळाव जाल्ल्यान हांव तुमचे कडेन माफी मागतां.
हें पळयात! म्हजीं पाखां कितलीं झडूंक लागल्यांत तीं.
म्हज्या पुर्वजां वांगडा अशें केन्नाच जालें ना.
म्हजी मजत करात.
देवा! तुवें कोणाल्याय घरा मशिनांतल्यान येवपी उदक तर पियेलें ना न्हय..?
तें उदक दशीत आसता अशें बी म्हणूं नाकात.


हांगा सगले आपणाल्यो समस्या सांगतात जाल्यार तुमी सगले फाटल्यान न्हिदतात?
इश्टांनो, हे भोवच गंभीर प्रस्न आसात. आमी हांचेर खूब खोलायेन विचार करचो पडटलो.
ह्या विशयाचेर तीन दिसांची आंतरराष्ट्रीय परिशद आयेजीत करून संवसारभराच्या विद्वानांक तातूंत आमंत्रण दिवचें असो प्रस्ताव हांव मांडटां.
तशेंच मनशांकूय चर्चे खातीर आमंत्रीत करचें.
शेवटाक मुन्नू घोंग्यान उपकाराचें उलोवप केलें आनी मिटिंग सोंपली.
आभार



विद्यया ऽमृतमश्नुते

एन सी ई आर टी
NCERT

राष्ट्रीय शैक्षिक अनुसंधान और प्रशिक्षण परिषद्
NATIONAL COUNCIL OF EDUCATIONAL RESEARCH AND TRAINING